**मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेवतीन हिंदी सृजनोत्सव कार्यक्रमाचे आयोजन**

ता. 20 सप्टेंबर 2022

मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेन बिरेस्तार ता. 22 सप्टेंबर 2022 दिसा सकाळी 9.30 वरांसावन पणजे संस्थेच्या सभाघरांत हिंदी सृजनोत्सव कार्यक्रमाचे आयोजन केला.

दर वर्सा संस्थेवतीन गोंयांत "हिंदी पंदरवडो" आनी हिंदी दिसाचो भाग म्हूण "हिंदी सृजनोत्सव" आयोजीत करपात येता. राष्ट्रभाषा हिंदीत ह्या दिसा साबार कार्यक्रम आयोजीत करतात.

हिंदी साहित्य मळावयल्यो नामनेच्यो लेखिका आनी निवेदिका श्रीमती सुधा अरोरा "हिंदी सृजनोत्सव" कार्यक्रमाक मुखेल सोयऱ्यो म्हूण उपस्थित रावतल्यो. हिंदी राष्ट्रभाषा परिशद गोंयच्यो अध्यक्ष श्रीमती कृष्णी वाळके कार्यक्रमाक मानाच्यो सोयऱ्यो आसतल्यो. संस्थेचे अध्यक्ष दशरथ परब, उपाध्यक्ष श्री. गोरख मांद्रेकर आनी वांगडी सचीव श्री. अशोक परब हेवूय ह्या कार्यक्रमाक उपस्थित आसतले.

संस्थेन गोंयांतल्या महाविद्यालयीन आनी विद्यापीठांच्या विद्यार्थ्यांखातीर हिंदीत राष्ट्रीय एकात्मता गीत, वक्तृत्व सर्त, निबंध लेखन, कविता वाचन आनी एकपात्री नाट्य सर्तींचे आयोजन केला.

संस्थेन हिंदी प्रेमी आनी साहित्यिकांक हिंदी दिस कार्यक्रमाक उपस्थित रावपाची विनंती केल्या.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/553

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji